पणजी नॅशनल

9.5.2025 @ 6.30 pm

Pak

भारतीय सशस्त्र दलांनी काल रात्री ड्रोन आणि क्षेपणास्त्राचो वापर करून उत्तर आणि पश्चिमेकडल्या शारांक लक्ष्य कर पाचे पाकिस्तानचे सगळ यत्न मोडून उडयले

मुख्यालयाच्या एकात्मिक संरक्षण दलाच्या माहिती प्रमाण पाकिस्तानान जम्मू, पठाणकोट आणि उधमपूर हांगच्या लष्करी तळांक आणि आंतरराष्ट्रीय सीमेकडल्या सुवातींक लक्ष्य करपाचो प्रयत्न केलो. पुण भारतीय सशस्त्र दलांनी हो हल्लो यशस्वीरित्या निष्क्रिय केलो आणिकसलीच जीवितहानी जावुक ना

सीमा सुरक्षा दलान काल राती जम्मू आणि काश्मीरच्या सांबा जिल्ह्यातल्या आंतरराष्ट्रीय सीमे२ घुसखोरी चो एक व्हड प्रयत्न उधळून उडयलो, जातुंत किमान सात दहशतवादी सोपले.  बीएसएफच्या सूत्रांनी सांगले की, दहशतवाद्यांच्या एका  गटा१ घुसखोरीचो केल्लो प्रयत्न पाळत दवरपी ग्रिडान सोदुन काढला. सतर्क सैनिकांनी धांधारात पाक चौकीचे व्हड नुकसान केले.

Rajnath

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह  आज नवी दिल्लीत पश्चिम सीमे वेली सुरक्षा परिस्थिती आणि भारतीय सशस्त्र दलांच्या ऑपरेशनल तयारीचो नियाळ घेवपाक उच्चस्तरीय बसकेचे अध्यक्षस्थानार आशिल्ले

या बसकेक संरक्षण प्रमुख जनरल अनिल चौहान, लष्कर प्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी, हवाई दल प्रमुख मार्शल अमरप्रीत सिंह आणि नौदल प्रमुख एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी संरक्षण सचिव आरके सिंह उपस्थित अशिल्ले

मजगती, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सीमा सुरक्षा दल, सीआयएसएफ आणि नागरी विमान येरादारी सुरक्षा ब्युरो (बीसीएएस) च्या महासंचालका वांगडा बसका घेतली

Interntional

ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्या उपरांत दहशतवादाचो फुड़ो कर पाक भारताच्या दृष्टिकोनाक आंतरराष्ट्रीय समुदायाकडल्यान नेटाचो तेको मेळला. अमेरिका, ब्रिटन, इस्रायल, सौदी अरेबिया, कतार आणि युएईसयत हेर देशांनी भारताच्या भूमिकेक तेको दिला

युरोपियन युनियन आणि सगळ्या २७ सदस्य राष्ट्रांनी एकजूट आणि खर निवेदन जारी केले

Coverage

सरकारन सगळी माध्यम चॅनेल, डिजिटल प्लॅटफॉर्म आणि व्यक्तीं क संरक्षण कारवायो आणि सुरक्षा दलांच्या हालचालींचे लाईव्ह कव्हरेज वा रिअल-टाइम रिपोर्टिंग करपापासून परावृत्त करपाचे आवाहन केला

मंत्रालयान कारगिल झुज, २६/११ हल्लो आणि कंधार अपहरण यासारख्या काय भूतकाळातल्या घडणुकांचो उल्लेख करून अकाली रिपोर्टिंगचे धोके अधोरेखित केले. सल्लागारात म्हणला की, केबल टेलिव्हिजन नेटवर्क्स (सुधारणा) नियमांप्रमाण दहशतवादविरोधी कारवायां वेळार फक्त नियुक्त अधिकाऱ्यांकडच्यान नियतकालिक ब्रीफिंगाक परवानगी आसा. राष्ट्राच्या सेवेत सर्वोच्च मानकांचे पालन करून कव्हरे जात दक्षता, संवेदनशीलता आणि जबाबदारी बाळ गुपाचे आवाहन सगळ्या भागधारकांक केला

Oil

इंडियन ऑइल कॉर्पोरेशन लिमिटेड (आयओसीएल) न म्हणाला की देशभरात इंधनाचो फाव तो साठो आसा आणि तांची पुरवण लाइन सुरळीतपणान सुरू आसात सगळ्यांक अखंड इंधन उपलब्धता सुनिश्चित करपाक नागरिकांनी भियेवन खरेदी करप आणि अनावश्यक गर्दी टाळपाचे आवाहन आयओसीएलन केला. त्यांच्या सगळ्या आउटले टार इंधन आणि एलपीजी सहज उपलब्ध आसा अशेय म्हणला

Nadda 80

केंद्रीय भलायकी मंत्री जे पी नंडडा हाणी अध्यक्ष म्हण भलायकी मंत्रालयाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा आणीबाणीच्या भलायकी वेवस्थेचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर उच्च पांवड्यावेली बसका घेतली.

आपत्कालीन प्रकरणां हाताळपा खातीर वैजकी तयारीची सध्याची स्थिती तांकां हेवेळार सादर केली. एम्ब्युलन्स तैनात करपा संबंदी घेतिल्ल्या कृतीं विशीं तांकां म्हायती दिली; उपकरणां, वखदां, रगताचीं बाटलीं आनी उपभोग्य वस्तू खाटी, आयसीयू आनी एचडीयू हांचे नदरेन हॉस्पिटलाची तयारी; भीष्म क्यूब, प्रगत मोबायल ट्रॉमा केअर युनिट फावो त्या प्रमाणांत उपलब्ध आसात हाची खात्री करप हेविशी ताणी नियाळ घेतलो

Railway

सध्याच्या परिस्थितीच्या फाटभुंयेर, भारतीय रेल्वेन जम्मू आणि उधमपूर हांगा सावन खासा गाड्यो घालपाची योजना आखल्या . १२ अनारक्षित आणि १२ आरक्षित कोच आसलेली ०४६१२ ही गाडी जम्मू सावन सकाळी १०.४५ क भायर सरतली आनीक २० कोच आसलेली वंदे भारत दनपारा १२.४५ क उधमपूर सावन जम्मू आणि पठाणकोटमार्गे धावतली. तर जम्मू सावन सांजे ७ क आनी क एक पूरायपणान आरक्षित विशेष गाडी चलोवपाचे नियोजन केला

फिल्म

भारतीय सशस्त्र दळान हातांत घेतिल्ली एक व्हडली राष्ट्रीय मोहीम म्हणून ऑपरेशन सिंदूर मुखार सरता तेन्ना भारतीय फिल्मचे वांगडी आपलो तेंको दिवपाक मुखार आयल्यात. सशस्त्र दळांच्या समर्पणाची आनी सेवेची कदर करपा खातीर हिंदी, तेलुगू, तमिळ, मलयाळम, कन्नड, पंजाबी आनी हेर देशांतल्या वेगवेगळ्या चित्रपट उद्देगांतल्या प्रतिनिधींनी वांटो घेतला.

जायत्या नामनेच्या कलाकारांनी एकचार आनी प्रोत्साहाचे संदेश शेअर केल्यात .

Ipl

आयपीएल 2025 वर्साचो उरिल्लो हंगाम एक सप्तका खातीर रोखडोच स्थगीत करपाची घोशणा भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान केल्या.

NSD

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज पोप लियो xiv हांकां भारतांतल्या लोकां वतीन शुभेच्छा दिल्यात . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी म्हणला की पोप लियो xiv हांणी कॅथलिक इगर्जेचें फुडारपण अशा वेळार हातात घेतला , जेन्ना शांतताय, एकचार, भावपण आनी सेवा ह्या आदर्शांक चालना दिवप खूब म्हत्वाचें आसा